गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी', पयलो मजलो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळ: http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक 11, वर्स 2018**

सकयल दिल्ल्या पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात. अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 23.11.2018 आसा. ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो सुचोवण्यो जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां, भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार आनी वरिश्ठ तंत्रिकी विज्ञानीक पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारसीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, "सुचोवण्यांनी" नमुद केल्ल्या प्रमाणें मुलाखतीक आपोवंक आयोग उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

**I.उच्च शिक्षण संचालनालय**

**3. सरकारी महाविद्यालयांत सहाय्यक प्राध्यापक (Assistant Professors in Government College in)**

**I. Marathi (मराठी) .......1पद**

**II. Commerce (वाणिज्य) ...... 1 पद**

**वेतन श्रेणी: रु.** 15,600-39,100+6,000/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 1 0 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** i) विदेशी विद्यापिठांतल्यान तत्सम पदवी वा भारतीय विद्यापिठांतल्यान संबंदीत विशयांत तत्सम ग्रेडींत मास्टर्स पदवी स्तर वा उण्यांत उणे 55 % गुणां सयत बऱ्या शिक्षणीक वावराचें ज्ञान ii) सहाय्यक प्राध्यापकाचे नेमणुके खातीर आवश्यक आशिल्ली राष्ट्रीय पात्रताय परिक्षा ( NET) / राज्य स्तरीय पात्रताय परिक्षा (SET) सक्तीची आसा. तथापी, "विद्यापीठ अनुदान आयोग नियमन 2009 चे मान्यतायेन (पीएच.डी पदवी मेळोवपा खातीर किमान प्रमाणन आनी प्रक्रिया) पीएच.डी पदवी प्रदान केल्ल्या उमेदवारांक, महाविद्यालयांत तत्सम स्थान वा सहाय्यक प्राध्यापकाची नेमणूक आनी भरती खातीर NET/SET ची किमान पात्रताय अटीचे आवश्यकतायेची सूट दितले.

iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक :- i) संबंदीत विशयांत एम.फिल वा पीएच. डी. ii) मराठीचें गिन्यान.